# Regional News

**5 july 2025** **7.25 am**

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज दिल्लीत केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव तशेच केंद्रीय रेल्वेमंत्री अश्विनी वैष्णव हांची भेट घेवन तरेकवार विशयांचेर चर्चा केली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे फुडारपणा खाला जीएसटी मंत्रीगटाची बसका जाली.जीएसटी मंत्रीगट बसके खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे बिरेस्तारा राती दिल्ली गेले. तांचे सयत सभापती रमेश तवडकार हे लेगीत दिल्ली गेले. शुक्रारा सकाळी सभापती तवडकार आनी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हांची भेट घेतली. तरेकवार प्रकल्पां खातीर राना मंत्रालयाची मान्यताय दिवपाचेर चर्चा जाली.मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांजे केंद्रीय रेल्वेमंत्री अश्विनी वैष्णव हांची भेट घेतली. कोकण रेल्वेच्या मुळाव्या सुविधांमदी वाड करपाची मागणी मुखेलमंत्र्यांनी केली.इतले मजगती दिल्लीत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे फुडारपणा खाला जीएसटी मंत्रीगटाची बसका जाली. जीएसटी येणावळीचो नियाळ घेवपा सयत राज्य आनी केंद्रांमदी समन्वय सादपाचेर बसकेत चर्चा जाली, अशी माहिती मुखेलमंत्र्यांनी ट्विट करून दिल्या.

---

स्वामी विवेकानंद हांचे विचार सगळ्या समाजाक उंचायेर व्हरुन दवरपी आसले त्याखातीर तांच्या विचारांचो वारसो जपप ही आयच्या तरणाट्या पिळगेची जबाबदारी आसा अशी प्रतिक्रिया भारतीय जनता पक्षाचे गोंयचे प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी उक्तायली. स्वामी विवेकानंद हांच्या नांवान मडगावच्या रवीन्द्र भवनात सुरु केल्ल्या स्वामी विवेकानंद केंद्रात आयज विवेकानंदांची १२३ वी पुण्यतिथ पाळली. मडगावच्या ह्या विवेकानंद केंद्रात वाचनालय आनी संशोधन केंद्राखातीर तजवीज करतले अशें तांणी सांगलें.आयच्या ह्या सुवाळ्याक मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हेय हाजीर आशिल्ले. विवेकानंद हांचे पाय मडगावच्या भूंयेकय लागिल्ल्यान मडगावची भूंय पावन जाल्या अशे मत तांणी उक्तायले. शिकागोच्या धर्मसभेत वचचे आदी ख्रिस्ती धर्मशास्त्राचो अभ्यास करपाखातीर स्वामी विवेकानंद गोंयांत आयिल्ले आनी त्यावेळार तांचो राबितो मडगांवां आशिल्लो हाची याद ह्यावेळार काडली. ह्यावेळार कामत हांचे हस्तुकीं मडगाव रवींद्र भवन वाठारात चाफ्याचे रोपटे लायले. रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष मनोहर बोरकार हांणी सगल्याक येवकार दिलो तर पूनम बुधोलकार हांणी सगल्यांचे उपकार मानले.

---

रोजगार निर्माण, रोजगारक्षमता आनी सामाजिक सुरक्षा वाडोवपा खातीर केंद्र सरकारान रोजगार सलग्न प्रोत्साहन (ELI) येवजण मंजूर केल्या. रोजगार निर्मितीक मजत करपा खातीर हे येवजणे अंतर्गत कर्मचाऱ्यांक आनी मालकांक प्रोत्साहन दितात. हे येवजणे अंतर्गत पयले फावट काम करपी कर्मचाऱ्यांक एका म्हयन्याचो पगार (15,000/- रुपयां

मेरेन) मेळपाक शकता आनी मालकाक अतिरिक्त रोजगार निर्मिती खातीर दोन वर्सां मेरेन सुविधा दितले, तशेंच उत्पादन क्षेत्रा खातीर आनीक दोन वर्सां खातीर वाडीव लाव दितले.ईपीएफओ कडेन पयले फावट नोंदणी करपी कर्मचाऱ्यांक 15,000/- रुपयां मेरेन एक म्हयन्याचो ईपीएफ पगार दोन हप्त्यांनी दितले. 1 लाख रुपयां मेरेन पगार आशिल्लें कर्मचारी पात्र आसतले. पयलो हप्तो 6 म्हयन्यांच्या सेवे उपरांत आनी दुसरो हप्ता 12 म्हयन्यांच्या सेवे उपरांत आनी कर्मचाऱ्यान अर्थीक साक्षरताय कार्यक्रम पुराय केले उपरांत दिवपात येतलो. बचतीची सवय लावपा खातीर प्रोत्साहन रक्कमेचो एक भाग थारावीक काळा खातीर बचत खात्यात कायम ठेव म्हूण दवरतले आनी उपरांत कर्मचारी ही रक्कम काडपाक शकतलो खास करून उत्पादन क्षेत्राचेर भर दिवन सगळ्या क्षेत्रांनी अतिरिक्त रोजगार निर्माण करपाचो उद्देश आसा. 1 लाख रुपयां मेरेन पगार आशिल्ल्या कर्मचाऱ्यां खातीर मालकांक प्रोत्साहन मेळटले

---

गोय वेधशाळेच्या म्हणण्या प्रमाण आयज गोयांत थोड्या सुवातींनी उटानगराचे पावसाची शक्यताय आसा. उत्तर आनि दक्षिण गोयांत ३० ते ४० कमी वेगान वारे आसताले . गोयांत आयज उण्यात उणे तापमान २५ अंश celcius आनी चडांत चाड तापमान २८ अंश celcius आसपाची शक्यताय आसा राज्यांत आयज orange अलर्ट जरी केला

---

संवसारीक विजेतो गुकेश डोम्माराजू हाणें क्रोएशियाच्या झाग्रेबांत जावपी ग्रँड बुध्दिबळ भोंवडेच्या रॅपिड आनी ब्लिट्ज 2025 सर्तीच्या भागांत रॅपिड खिताब जिखला. 19 वर्सां पिरायेच्या ह्या भारतीय खेळगड्यान निमाण्या फेरयेंत अमेरिकेच्या वेस्ली सोकाक हारयलो . गुकेशान वेस्लीक 38 हालचालींनी हारयलो आनी रॅपिड विभागांत सातवो जैत मेळयलें

---